**<u>पेडण्या पंचायत मंत्र्याच्या उपस्थितीत जनता दरबार जालो</u>**

ता. 14 ऑगस्ट 2023

येरादारी आनी पंचायत मंत्री श्री. मॉविन गुदिन्हो हांच्या उपस्थितीत आयज पेडणे तालुक्यातल्या धारगळ पंचायतीत जनता दरबार जालो. उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी कार्यालयान आयोजीत जनता दरबारात श्री. गुदिन्हो हांणी लोकांची गाराणीं आयकून घेतली आनी संबंदीत अधिकाऱ्यांक लोकांचे प्रस्न सोडोवपाचो आदेश दिले.

आमदार श्री. प्रविण आर्लेकर, श्री. जीत आरोलकर आनी पेडणेच्या लोकांनी मंत्र्यासामकार मतदारसंघातली विकास कामां आनी समस्यां मांडल्यो.

साळगांवचे आमदार श्री. केदार नाईक, उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी मामू हगे, उद्देग, वेपार आनी वाणिज्य खात्याच्यो संचालक स्वेतिका साचन, गोंय उद्देगीक विकास म्हामंडळाचे वेवस्थापकीय संचालक प्रविमल अभिषेक, पंचायत संचालक श्रीमती सिध्दी हळर्णकर, येरादारी खात्याचे संचालक राजन सातार्डेकर, पेडणेचे उपजिल्हाधिकारी दिपक वायंगणकर, धारगळचे सरपंच अनिकेत साळगांवकर आनी हेर खात्यांचे मुखेली आनी अधिकारी जनता दरबाराक उपस्थित आशिल्लें.

अतिरिक्त जिल्हाधिकारी, उत्तर गोंय श्री. पुंडलीक खोर्जुवेकर हांणी उपस्थितांक येवकार दिलो. रामदास दावरे हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/638

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.